Akashwani Panaji 6th November 2026 National news 8.40 am

* भारताच्या खेळां वस्तू उद्देगाक देशी उत्पादनांत नवे मापदंड थारावचे आनी संवसारीक बाजारांत देशाची सुवात घटमूट करची असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नीती आयोगाच्या नव्या पंगडाक मेळून भारताच्या उदरगतीचीं ध्येयां मुखार व्हरतना परिवर्तनकारी कल्पना तयार करपाचो उलो मारलो.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी हरियाणाच्या अंबाला हांगा अठराशे सत्तावन वर्साच्या पयल्या स्वातंत्र्याच्या झुजाच्या हुतात्मा स्मारकाचें उक्तावण केलें .

* आयज धन्त्रयोदस मनयतात

Aata puray khabro

pm 130

भारताच्या खेळां वस्तू उद्देगाक देशी उत्पादनांत नवे मापदंड थारावचे आनी संवसारीक बाजारांत देशाची सुवात घटमूट करची असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला.. काल सांजेवेळा नवी दिल्लींत आशियाई पॅरा खेळां सर्तीच्या भारतीय पंगडा कडेन तानी संवाद साध्लो. जपानांतल्या आयची-नागोया हांगा हे खेळ जाले. संवसारभरांतल्या खेळगड्यानी वापरिल्लीं खेळां उपकरणां, मेड इन इंडिया आसूंक जाय अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगले byte ECOSYSTEM आशियाई पॅरा खेळां सर्तींत भारतान 2010 वर्सा 14 पदकां मेळयल्ल्यान अंदूं जपानांत

114 पदकां मेळयल्ल्याची उल्लेखनीय वाडीची नोंदणी प्रधानमंत्री मोदी हांणी केली. देशांतल्या खेळगड्यांची अफाट प्रतिभा आनी तांक तातूंतल्यान दिसून येता अशें तांणी सांगलें. Byte athlete आशियाई पॅरा गेम्स 2026 वर्सा भारतान आपली सगळ्यांत बरी कामगिरी नोंद केली. वट्ट 97 भारतीय पॅरा खेळगड्यांक 114 पदकां मेळ्ळीं, तातूंत 30 भांगरा, 35 रुप्या आनी 49 कांस्य पदकाचो आस्पवता. सरकार शाळा आनी तळागाळातली कार्यावळ, 'खेलो इंडिया' केंद्रा आनी TOPS म्हळ्यार 'टार्गेट ऑलिम्पिक पोडियम स्कीम' खाला ऑलिम्पिक दर्जाचे प्रशिक्षण दिवन एक आधुनिक खेळ परीसंस्था विकसित करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले.आशियाई पॅरा गेम्स सर्तीत ११४ पदकां मेळोवन विक्रम प्रस्थापित केल्ल्या भारतीय पंगडाचो भोवमान करताना ते उलयताले. तांणी हे यशाचेर आदारून लॉस एंजलस २०२८ ऑलिम्पिक खेळांची तयारी करचे अशेंय आवाहन तांणी केले. हेवेळार मुखार उलयताना तांणी सांगले

Pm 153

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नीती आयोगाच्या नव्या फुडाराच्या पंगडाक मेळून भारताचीं दीर्घकालीन उदरगतीचीं ध्येयां मुखार व्हरतना परिवर्तनकारी कल्पना तयार करपाचो उलो मारलो. ह्या बसकेंत प्रधानमंत्र्यांनी तळागाळांतल्या बदलाक चालना दिवपा खातीर मुखेल संशोधन आनी शिक्षणीक संस्था आनी राज्य सरकारां कडेन सहकार्य करपाची गरजेचेर भर दिलो. तशेंच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सरकाराच्या भौशीक धोरण विचार मंडळाक जिल्हे आनी वंचित

समाजाचेर लक्ष केंद्रित करपाचे निर्देश दिवन वांगड्यांक मुल्यांकन करचें अशें सांगलें. अधिकाऱ्यांच्या म्हणण्या प्रमाण रोजगार निर्मिती, संवसारीक दर्ज्याची मुळावी बांदावळ आनी उत्पादन आनी तंत्रगिन्यानाच्या आदारान चलपी क्षेत्रांतली घरगुती क्षमता घटमूट करपाची चर्चा जाल्ली. संवसारीक अनिश्चिततायें मदीं सरकार 2027-28 वर्साच्या अर्थसंकल्पा खातीर आपलीं प्राधान्यां तयार करता.

shah 197

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी हरियाणाच्या अंबाला हांगा अठराशे सत्तावन वर्साच्या पयल्या स्वातंत्र्याच्या झुजाच्या हुतात्मा स्मारकाचें उक्तावण केलें .सुमार सशे कोटी रुपयांच्या खर्चान बांदिल्ल्या ह्या स्मारकांत इतिहासीक दस्तावेज, पारंपारीक कारागिरी आनी डिजिटल तंत्रगिन्यानाचो मेळ घालून 22 गॅलरी आसात. हाजीर आशिल्ल्यां मदीं हरियाणाचे मुख्यमंत्री नायब सिंग सैनी आनी केंद्रीय मंत्री मनोहर लाल हांचो आस्पाव आशिल्लो.ह्या सभेंत उलोवप करतना अमित शाहा हाणी , क्रांतीकारी झुजाऱ्यांनी १० मे १८सत्तावन्न दिसा आंबाला छाव्यांत ब्रिटीश सत्तेआड सशस्त्र संघर्श सुरू केल्लो आनी उपरांत ही चळवळ देशभर पातळ्ळी आनी ब्रिटीश साम्राज्याची बुन्यादनष्ट केल्ली अशे सांगले byteSMARAK .

Dhanteras 58

आयज धन्त्रयोदस मनयतात. दिवाळे आदीं पडपी हो उत्सव गिरेस्तकायेचें, बरी भलायकी, समृध्दीचें प्रतीक मानतात. ह्या दिसा भक्त धनवंतरी, देवी लक्ष्मी, कुबेरची पुजा करतात. लोकांच्या समजुतीप्रमाण

हया दिसा पुजा केल्यार आनी खरेदी केल्यार घरांत सुख, गिरेस्तकाय, समृध्दी येता . लोक चड करून भांगर, रुपें, आयदनां, वाहनां, आनी हेर नवी वस्तू विकत घेता

joshi 150

केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी भारत 2030 मेरेन 190 गिगा WATTS बिगर जीवाश्म इंधन वीज क्षमता जोडपा खातीर 220 अब्ज डॉलर गुंतवणूक मोख ओंपपाची मोख दवर्ता अशे सांगला .भारत नवीकरणीय उर्जा शिखर सभेच्या 2026 च्या बास्केट प्रसार माध्यमा कडेन उलाय्त्ना तानी , वट्ट 7 लाख कोटी रुपयांची गुंतवणूक, तातूंत देशी निधी आनी... परकी थेट गुंतवणूक, फाटल्या दोन वर्सांत नवीकरणीय उर्जा क्षेत्रांतआसा अशे सांगले . ही गती चालूच उरतली आनी भारत वेळापत्रका प्रमाण 500 gw मोख पुराय करतलो अशें तानी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या निर्देशा प्रमाण आनीक 300 gw जोडपा खातीरय रणनिती तयार करतात अशें तांणी सांगलें. सध्या बिगर जीवाश्म इंधनांतल्यान देशांतली स्थापन केल्ली वीज क्षमता 310 जीडब्ल्यू आसा अशें तांणी सांगलें, आनी केंद्र सरकारान 2030 मेरेन 500 जीडब्ल्यू मेरेन पावपाचें लक्ष्य थारायलां.मजगतीं, नव आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्रालयाचे सचीव संतोष कुमार सारंगी हांणी सांगलें, सौर मॉड्यूल कोयर रिसायकल करपा खातीर सरकार नवे मार्गदर्शक तत्वां तयार करता.

Goa 143

केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी केंद्रान कोळसो आनी खनिज विनिमय सुरू करपाची येवजण आंखल्या आनी तयारीचें काम सुमार 90 टक्के पुराय जालां अशे कळायला . काल दक्षिण गोंयांत खण आनी कोळसो क्षेत्रांतल्या सुदारणां विशीं खण मंत्र्यांच्या चवथ्या परिशदेंत ते उलयताले. हाका लागून कंपनींक, उद्देगांक आनी वेपाऱ्यांक राज्यांतल्यान तयार जाल्लें कोळसो आनी खनिजां विकतें घेवपाक आनी विकपाक एक समान माची मेळटली अशें रेड्डी हांणी सांगलें. तातूंत लोखण धातुक, चुनखडी, बॉक्सायट आनी गंभीर खनिजां आनी कोळसो हांचो आस्पाव जातलो. हाका लागून बाजारांत प्रवेश सुदारतलो. खण क्षेत्रांतली येणावळ शाण्णव टक्क्यां मेरेन राज्य सरकारांक वता अशें रेड्डी हांणी सांगलें. खनिजांचेर एकठांय जावपी जीएसटीच्या 50 टक्क्यां मेरेन केंद्राचो वाटो मर्यादीत आसा. कोळसो नाशिल्ल्या खणकामांतल्यान राज्यांची येणावळ 2014-15 वर्सा सुमार 13 हजार कोटी रुपया आशिल्ली. आतां ती 70 हजार कोटी रुपयां वयर पावल्या. जिल्लो खनिज फावंडेशनाच्या खाला सुमार 1.छत्तीस लाख कोटी रुपया जमल्यात.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला

sports ४२

आशियाई हॉकी सर्तीत भारतान जैत जोडून णवव्या हीरो आशियाई हॉकी चॅम्पियनशिपचे वस्तादपण मेळयले. पंजाबातल्या मोहालीत जाल्ल्या निमण्या खेळात, भारतान जपानाक ४-१ अशें हारयले.

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

* भारताच्या खेळां वस्तू उद्देगाक देशी उत्पादनांत नवे मापदंड थारावचे आनी संवसारीक बाजारांत देशाची सुवात घटमूट करची असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नीती आयोगाच्या नव्या पंगडाक मेळून भारताच्या उदरगतीचीं ध्येयां मुखार व्हरतना परिवर्तनकारी कल्पना तयार करपाचो उलो मारलो.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी हरियाणाच्या अंबाला हांगा अठराशे सत्तावन वर्सांच्या पयल्या स्वातंत्र्याच्या झुजाच्या हुतात्मा स्मारकाचें उक्तावण केलें .

* आयज धन्त्रयोदस मनयतात